**प्रयोगसांज कार्यक्रमात फाल्या शेनवारा "हत्तमालाच्या पल्याड"**

ता. 25 फेब्रुवारी 2022

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या "प्रयोगसांज" कार्यक्रमात फाल्या शेनवार ता. 26 फेब्रुवारी 2022 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, **संस्कृती भवन**, पाटो पणजी हांगा थेटर फ्लेमिंगो वतीन **"हत्तमालाच्या पल्याड"** ही मराठी नाट्यकृती सादर करपात येतली. ह्या नाट्यकृतीचे दिग्दर्शन महेश खंदारे हांणी केलां. नाटकात श्रवण फोंडेकर, प्रणव टेंगसे, प्राजक्ता कवळेकर हांची भुमीका आसा. नाटकाची मुळ संहिता बादल सरकार हांची आसा. तशेंच मराठी अनुवाद अनिरूध्द देवधर हांणी केला. गीत आनी संगीत शिवप्रणव आळवणी हांचे आसा आनी नेपथ्य शाबलो गांवकर आनी सत्यम आचार्य हांचे आसा.

कोवीड एसओपीक आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो प्रयोग आयोजीत करतले. ह्या प्रयोगाक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण प्रेक्षकांक प्रवेश दिवपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/143

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji